२१-०१-२०२६

सकाळी :7.25

प्रादेशिक खबरो

लोकोत्सव उक्तावण -

भारत देशाक गिरेस्त संस्कृताय आसा,ती जपप आनी तिगोवन दवरप महत्वाचे ,जेका आपल्या संस्कृतायेचो विसर पडटा ताका फुडार ना अशे  कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी सांगले. तांच्या हस्तुकी काल 25 व्या लोकोत्सवाचे पणजे कला अकादमीच्या दर्या संगम वाठारात उक्तावण जाले. भारताच्या संस्कृतायेत जी विविधताय आसा ताचे दर्शन लोकोत्सवात जाता. खाद्य, वेश, भास हातूत विविधताय आसली तरी भारत देश एक आसा, अशें कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री रमेश तवडकार हांणी सांगलें. अंदू लोकोत्सवाचे 25वे वर्स आसा. लोकोत्सवात 450 तरेकवार स्टॉल्स आसा. दर दिसा मेळोन 18 राज्यातले कलाकार कला सादर करतलें. खरेदी तशेच सांस्कृतिक कार्यावळीक लागून दर दिसा कला अकादमी वाठारात गर्दी जाता. लोकोत्सवातली कला, खाद्य पदार्थ हांचो आस्वाद कला मोगींनी घेवचो, अशें आवाहन लेगित मंत्री रमेश तवडकार हांणी केले.

लोकोत्सव 29 जानेवारी मेरेन लोकां खातीर उक्तो आसतलो. दर वर्साप्रमाण अंदु लेगीत देशभरातले हस्तकला, लोककला ह्या लोकोत्सवावरवी अणभवपाक मेळटलो. ह्या उक्तावण सुवाळ्याक नामनेचे लेखक आनी लोककथाकार, पद्मश्री विनायक खेडेकर, , कला आनी संस्कृती संचालक विवेक नायक, खेळां आनी युवा वेव्हार संचालक,डॉ. अजय गावडे तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. ह्यावेळार लोककलची झलक दाखोवपी सांस्कृतीक कार्यावळ जाली.लोकोत्सवाच्या पयल्याच दीसा कला मोग्यांनी व्हडा आकड्यान हाजेरी लायील्ली ह्यावेळार पळोवपाक मेळ्ळी.

गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ

गोंयांत आवाजाचें उल्लंघन केल्यार गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ एक लाख रुपया मेरेन दंड घालतले . आवाजाच्या नेमाचें उल्लंघन केल्यार गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान खर ख्यास्त जाहीर केल्या, जाल्यार 20 हजार ते एक लाख रुपया मेरेन दंड भरचो पडटलो. 15 अधिसुचीत दीस सोडल्यार, रातच्या 10 वरां उपरांत संगीत वाजोवंक फावना. आवाजाच्यो कागाळी 8956487938 ह्या नंबरावरवी कळीत करच्यो, आनी हे विशी कारवाय करीत रोखडेच पुलीस आनी उपजिल्होधिकारी मंडळ धाडटात. तशेंच डेसिबल मर्यादा मोडल्यार कारवाय जातली. 38 हॉटस्पॉटांचेर ऑनलायन निरिक्षण सक्रिय आसा. आनी परत परत हो नेम मोडप्याक एक लाख रुपया मेरेन दंड वा त्या आस्थापनाचो परवानो निलंबीत करपाक मेळता अशी म्हायती काल गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळचे अध्यक्ष

डॉ लेविन्सन जे मार्टीन्स हांणी दिल्या. लग्नांतलें संगीत रातच्या 10 वरां मेरेन थांबपाक जाय, कायदो स्पश्ट आसा आनी पाळपाक जाय हाचेर भर दिवचो अशे तांणी ह्यावेळार म्हणला. गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ कोळसो हाताळणी आनी बंदराच्या कार्यावळींक लागून वास्कोत पी.एम पातळी खूब वाडटा. वाहनांतल्यान भायर सरपी उत्सर्जन, रस्त्यावयलो धुल्ल, जैवद्रव्य आनी दर्यांतले एरोसोल हांचोय वांटो आसा. तज्ञांनी बरे तरेन निरिक्षण आनी धुल्ल नियंत्रणाचे उपाय करपाची शिफारस केल्य अशिय म्हायती लेविन्सन मार्टीन्स हांणी पणजे घेतिल्या पत्रकार परीशदेत दिल्या.

रश्मी

नार्वे हांगाच्या घाट आरतीच्या विकासा खातीर वर्क ऑर्डर जारी केला . ही घाट आरती हरिद्वार, वाराणसी, नाशिक सारकिल्या न्हंयचे मुखामळाच्या प्रतिकात्मक धर्मीक थळां सारकिल्या भक्तांक, यात्रेकरुंक, पर्यटकांक आकर्शीत करपी मुखेल आकर्शण म्हणून काम करतली अशी म्हायती पर्यटन मंत्र रोहन खंवटे हांणी दिल्या 29 मे 2026 मेरेन काम पुराय जातलें अशी म्हायती हालिच जाल्य शियाळा धिवेशनाच्या प्रस्नाक लेखीजाप दितना मंत्री रोहन खवटे हांनी दिल्या. गोंयांत अध्यात्मिक पर्यटन वाडोवपाच्य नदरेतल्यान राज्य सरकार काम करता, हांतुन वेगेवगल्या धर्मिक थळांचे सोबितीकरण, नुतनीकरण, तशेंच पोरणी धर्णिक थळां जी आजुन exploreजांवक ना, ती उजवाडाक हाडपाच्या फांटभुयेंर अध्यात्मिक

पर्यटनाक  गोंय सरकार चालना दिता. घाट आरती खातीर साधन सुविदा उबारतना तांतुन पुजा मंडप, आरती खातीर खासा सुवात, भविकांक बसपाक सुवात, तशेंच नौकानयन, तिकीट कांऊंटर, केफेटेरीया,पर्यटन म्हायती केंद्र, फ्लोटींग जेटी, ल्हान बोटी,अशा बाबींचो आसपाव आसतलो.

हवामान

गोंयवेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडानचड तापमान ३०.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे **18.5** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले.

स्पोर्ट्स

आगामी सीनियर बायला एकदिसाच्या करंडक क्रिकेट सरती खातीर गोयचो  सतरा सदस्यीय पगड जाहीर केला आनी विनवी गुरव पगडचे फुडारपण करतले. स्पर्धा झारखंडतल्या  रांचीत  सहा फेब्रुवारीपासून जातली. गोय्चो एलिट क गटात समावेश आसा